Panaji Regional 30th April 2025 7.25am

सुशांत 155

नव्या शिक्षण धोरणांत शिक्षकांची जापसालदारकी वाडल्या. विद्यार्थ्यांक फकत पदवी मेळोवन दिवपा खातीर शिकोवचे बदला आता ह्या विद्यार्थ्यांची सर्वांगीण जडण घडण कशी करप ही जापसालदारकी शिक्षकांचेर येवन पडल्या अशें मत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मांडले. अखिल गोंय उच्च माध्यमीक शिक्षक संघटणेन घडोवन हाडिल्ल्या कलागुरुजन महोत्सवाचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. ही कार्यावळ मडगावच्या रवीन्द्र भवनात काल जाली. शिक्षण सचिव प्रसाद ला◌ेलयेकार हांचेय ह्यावेळार शिक्षकांक मार्गदर्शन जाले. गोंयांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांनी सुमार 20 हजार विद्यार्थी आनी एक हजार शिक्षक आसात. जर एका शिक्षकान फकत 20 विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादलो आनी नव्या शिक्षणीक अभ्यासक्रमाचेर आनी फुडाराक तांकां खंयचो करिअर मार्ग बरो आसतलो हाचे विशीं मार्गदर्शन केलें जाल्यार ह्या विद्यार्थ्यांचो फुडार पर्जळीत जावं येता अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळें.

२०३० मेरेन सगळ्या शिक्षकांक पुरायेन प्रशिक्षण दिवन नवे शिक्षणीक धा◌ेरण प्रभावीपणान राज्यात सुरु करतले अशें तांणी सांगलें. ह्यावेळार शिक्षण खात्याचे संचालक शैलेश झिंगडे, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भागीरथ शेटये आनी गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गोविंद पर्वतकार हाजीर आशिल्ले.

रश्मि /DIP 125

भलायकी सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यावळी खाला काल पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राज्य पांवड्याचेर संवसारीक मलेरिया दिस मनयलो. कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण भारतीय वैजकी संघटनेचे अध्यक्ष डॉ. दत्ताराम बी. देसाय हे उपस्थित आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना डॉ.

देसाय हांणी राज्यांत मलेरिया रोगाचेर नियंत्रण हांडपा खातीर भलायकी खात्याच्या कर्मचाऱ्यां कडल्यान जावपी वावराची तोखणाय केली आनी मलेरिया रोगाच्या निर्मूलनाखातीर सगळ्यांनी मेळून प्रयत्न करपाची गरज उक्तायली. कार्यक्रम अधिकारी आनी राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाचे उपसंचालक डॉ. कल्पना महात्मे हांणी येवकाराच्या उलोवपात गोंय राज्यांत मलेरिया नियंत्रणाखातीर केल्ल्या उपायांचो नियाळ घेतलो. BYTE

भलायकी मंत्र्यांचे विशेंश अधिकारी डॉ. राजनंदा देसाय आनी हेर भलायकी अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल.हे वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं मलेरिया निर्मूलनावयल्या पोस्टर सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर भलायकी सेवा मळावयल्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

रश्मि 85

2-4 मे ह्या काळात कोल्वा SAG मैदानाचेर spirit of goa 2025 festival चे आयोजन केला अशी म्हायती गोय पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी दील्या. ह्या महोत्सवात गोयचे हंगामी पेय फेणी ,हुर्राक तशेच काजुचे हेर जिन्नस तशेंच गोंयच्या पारंपारीक खाणा जेवणाचो आस्वाद घेवपाक मेळटलो.हे शिवाय हस्तकलाची दालना तशेच पारंपारीक लोक कलाचे दर्शन ह्या तीन दीसाच्या कार्यावळीत पळोवपाक मेळटले अशी म्हायती केदार नायक हांणी दील्या. byte

रश्मि 85

पणजे स्मार्ट सीटी प्रकल्पावरवी चालीक लायील्ल्या e-bus क ब प्रवाशांकडल्यान बरो प्रतीसाद मेळटा .पणजेत 7 रस्त्यावेल्यिन 48 e buses धावता.जाल्यार आतामेरेन ह्या बसीतल्यान 16. लाख92 हजार प्रवाशांनी प्रवास केला.हांतुल्यान 27.लाख 24 हजार रूपयाची येनावळ मेळ्ळया अशी म्हायती smart city प्रकल्पाचे मुखेल अधिकारी संजीत रोड्र्गीस हांणी दील्या.19500 प्रवासी smart transit card

वरवी तिकीट काडटित,फुडारात gpay, तशेंच debit and credit card paymet पर्याय उपलब्ध करतले अशी म्हायती तांणी दील्या.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.34% तीकीट digital mode जाल्यार 66% तीकीट पैशे दीवन लोक काडटात अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दीला.

Weather – 20

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्लय अदमासा प्रमाण राज्यांत आज चडान चड तापमान ३५ degrees celcius आनी उण्यांत उणे तापमान २७ degrees celcius इतले आसतले.